## ईएसआय म्हामंडळाची मालक आनी कर्मचारी नोंदणी खातीर प्रोत्साहन येवजण

ता. 15 जुलय 2025

कर्मचारी राज्य विमा म्हामंडळान मालक आनी कर्मचारी नोंदणी प्रोत्साहन येवजण (SPREE 2025) मंजूर केल्या. ईएसआय कायद्या खाला सामाजिक सुरक्षा कव्हर वाडोवपा खातीर हो एक विशेश उपक्रम आसा.

ही येवजण 1 जुलय ते 31 डिसेंबर 2025 मेरेन कार्यरत आसतली आनी कंत्राटी आनी तात्पुरत्या कामगारांसयत नोंदणी नाशिल्लें मालक आनी कर्मचाऱ्यांक तपासणी वा फाटल्या थकबाकीच्या मागण्यां बगर नोंदणी करपाची एक वेळ संद दिता.

SPREE 2025 खाला मालक तांचे उद्देग (युनिट्स) आनी कर्मचाऱ्यांची ESIC पोर्टल, श्रम सुविधा आनी MCA पोर्टला वरवीं डिजिटल पद्धतीन नोंदणी करपाक शकतात. अशी नोंदणी मालकान घोशीत केल्ल्या तारखे सावन वैध मानतले. नोंदणी पयलीच्या काळाखातीर कसलेच योगदान वा लाव लागू आसचो ना. तशेंच नोंदणी पयलीच्या कालावधी खातीर कसलीच तपासणी वा फाटल्या नोंदींची मागणी करचे ना.

ही येवजण पूर्वलक्षी दंडाची भिरांत पयस करून आनी नोंदणी प्रक्रिया सुलभ करून आपखोशेन नोंदणी करपाक प्रोत्साहन दिता. ह्या येवजणे पयली ठरावीक वेळेत नोंदणी न केल्यार कायदेशीर कारवाय आनी आदल्या थकबाकीची मागणी जाताली. ही नवीन येवजण ह्यो अडचणी पयस करता, जाचो उद्देश नोंदणी जांवक नाशिल्ल्या आस्थापनांक आनी कामगारांक ईएसआय खाला हाडप आनी व्यापक सामाजिक सुरक्षेची खात्री दिवप हो आसा.

SPREE 2025 ही येवजण कर्मचारी राज्य विमा महामंडळान नोंदणी प्रक्रिया सुलभ करून आस्पावीत आनी सुलभ सामाजिक सुरक्षेच्या दिकेन मारिल्ले एक म्हत्वाचे पावल आसा. ही येवजण न्हय फकत मालकांक तांच्या कर्मचाऱ्यांक नियमित करपाक प्रोत्साहित करता, जाल्यार चडांत चड कामगारांक, खास करून कंत्राटी क्षेत्रांतल्या कामगारांक ईएसआय कायद्या खाला आवश्यक भलायकी आनी सामाजिक लाव मेळपाची खात्री लेगीत दिता. भारतांतल्या कल्याण-केंद्रित कामगार वेवस्थेच्या व्हिजना कडेन सुसंगत रावन आपली सेवा मजबूत करपाक आनी सार्वत्रिक सामाजिक सुरक्षेचो उद्देश पुराय करपाक कर्मचारी राज्य विमा म्हामंडळ (ईएसआयसी) वचनबद्ध आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/610

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.